# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं

ता. 19 ऑक्टोबर 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दिवाळीच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळी सणाविशीं लाखांनी लोकांच्या काळजात विशेंश स्थान आसा. दिवाळी सण उजवाडान काळखाचेर, ज्ञानान अज्ञानाचेर आनी सद्‌गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. दिवाळीच्या सणानिमतान कुटुंबां एकटाय येतात, दिवें आनी कंदील पेटोवन घरांनी रोशणाय करतात आनी समाजात हो सण व्हडा उमेदीन आनी भक्तिभावान मनयतात.

हो सण न्हय फकत खुशालकाय मनोवपाचो, जाल्यार आमचो सांस्कृतीक वारसो आनी दया, एकजूट आनी सलोख्याच्या मुल्यांचो उगडास करपाचोय सण आसा. गोंया सारख्या विविधताय आनी गतीशील राज्यांत दिवाळीच्या सणानिमतान सगळ्यां समाजांमदी भावपण आनी शांतीकायेची भावना दिसून येता.

दिव्यांच्या ह्या सोबीत उत्सवाच्या प्रसंगार हांव सगळ्यां लोकांक समाजाखातीर सकारात्मक योगदान दिवपाचो आनी गोंय आनी राष्ट्राखातीर पर्जळीत, अदीक आस्पावीत आनी शाश्वत फुडार निर्माण करपा खातीर एकवटान काम करपाचो उलो मारता.

हांव सगळ्यांक हर्षउल्हास आनी भाग्याची दिवाळी आवंडेता. दिवाळीचो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, भरभराट आनी सुख-समृध्दी घेवन येव, अशें राज्यपालान आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/824

--

---


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.